**TRANSLATED COPY**

(इंग्लीशींत टंकलिखीत केल्ल्या न्याय-निर्णयाचो कोंकणी अणकार)

म्युटेशन न्याय प्रक्रिया व्याप्ती

*(एफ.एम.रैस,जे)*

हिजिनो व्ही दे एम व्हिएगाश आनी हेर — याचिकादार

विरुद्ध

थॉमस डायस आनी आनीक एक — प्रतिवादी

(अ) **गोंय भूंय महसूल संहिता, 1968, एस. 96** – म्युटेशन न्याय प्रक्रिया – व्याप्ती – म्युटेशनाची नोंदी करपी अधिकाऱ्यांक पक्षकारांचे मालकीहक्क थारावपाचो अधिकार ना – भूंय महसूल संहितेचे तरतुदींचे नदरेन म्युटेशन न्याय प्रक्रियेंत चवकशीची व्याप्ती सामकीच मर्यादीत आसा. (परिच्छेद 7)

डब्ल्यू.पी.नं. 2010 ची 45, जी 19-8-2013 त निकालांत काडली. (पणजी-गोंय)

(b) **गोंय भूंय महसूल संहिता, 1968, एस. 96** – याचिकादारान वादग्रस्त (तंट्यांत आशिल्ली) मालमत्ता ही आपल्या बापाय कडल्यान मेळयल्या आनी उत्तराधिकारी करारपत्राच्या आदाराचेर म्युटेशन करूंक मागलां –ही मालमत्ता मेल्ले व्यक्तीच्या नांवार जो मेरेन नासता, तेन्ना मेरेन वारसो हक्क करारपत्र हो स्वता वादग्रस्त मालमत्तेचेर कसलोच हक्क सिद्ध करूंक शकना.

याचिकादारां खातीरः *एस. जी. देसाई, ज्येश्ठ वकील हे बी. महात्मे वांगडा*

प्रतिवादीं खातीर : *जे. ई. कोएलो पेरेरा, ज्येश्ठ वकील हे व्ही कोरगांवकारा वांगडा*

*संदर्भीत केस:*

*रोहिदास विठ्ठल पाटील आनी हेर विरुद्ध उपविभागीय अधिकारी (महसूल) नंदुरबार आनी हेर, 1993 बॉम्बे सिव्हिल जोर्नाल 431* (परिच्छेद 10)

**तोंडी निकालः-** याचिकादाराची बाजू मांडपी ज्येश्ठ वकील श्री एस. जी. देसाई आनी प्रतिवादीची बाजू मांडपी विद्वान ज्येश्ठ वकील श्री. जे. ई. कोएलो पेरेरा हांचें म्हणणें आयकून घेतलें.

2. वयले याचिकेंत भूंय महसूल अपील क्रमांक 225/2001 त दिल्लो 23-0-2009 चो निकाल रद्द करचो, तसोच तारीख 26-5-2010 ची कळोवणी बेकायदेशीर थारावची आनी रद्द करची अशी मागणी केल्ली.

3. थोड्या भितर, याचिकादारान सांगिल्ले प्रमाणें, केशीची वस्तुस्थिती अशी आसा की, याचिकादारान केळशी गांवच्या सर्वेक्षण क्रमांक 128/10 खाला सर्वेक्षण केल्ले मालमत्ते कडेन संबंदीत हक्काचे नोंदींत आपलें नांव आसपावीत करपा खातीर साश्टीच्या जोड-मामलेदारा कडेन अर्ज केल्लो. याचिकादाराची केस फटीची आशिल्ल्याचो आरोप करीत, प्रतिवादींनी म्युटेशनाच्या दाव्याचेर आक्षेप हाडलो. 29-11-2000 च्या आदेशा वरवीं विद्वान जोड-मामलेदारान प्रतिवादींनी दाखल केल्लो आक्षेप न्हयकारून, याचिकादारान दाखल केल्लो म्युटेशनाचो अर्ज मंजूर केलो. ह्या आदेशाक लागून व्यथीत जाल्ल्या प्रतिवादींनी उप-जिल्लोधिकारी आनी दक्षीण गोंय मडगांव हांगच्या एस.डी.ओ. हांचे कडेन अपील क्रमांक 2/2001 सयत पयली अपील दाखल केल्ली. उप-जिल्लोधिकारी आनी एस.डी.ओ. हांणी तारीख 13-11-2001 च्या आदेशा वरवीं प्रतिवादींनी दाखल केल्ली अपील भायर उडयली. उप-जिल्लोधिकाऱ्याच्या आदेशाक लागून व्यथीत जाल्ल्या प्रतिवादींनी प्रशासकीय त्रिबुनाला कडेन अपील दाखल केली, जी तारीख 23-9-2009 च्या आदेशा वरवीं निकालांत काडली, जाचे वरवीं अपील मंजूर केली आनी सकयल्या पांवड्या वयल्या अधिकाऱ्यांचो आक्षेपीत आदेश बेकायदेशीर थारायलो आनी रद्द केलो. हाचो परिणाम म्हूण, केळशी गांवच्या सर्वेक्षण क्रमांक 128/10 त आशिल्ले मालमत्तेच्या संदर्भांत 1&XIV च्या उताऱ्यांत (फॉर्म 1&XIV) आशिल्ल्यो नोंदी पुनर्संचयीत करपाचो निर्देश अधिकाऱ्यांक दिलो. ह्या निर्णयान व्यथीत जावन, याचिकादारान सध्याचे रीट याचिकेक प्राधान्य दिलां.

4. याचिकादाराची बाजू मांडपी ज्येश्ठ वकील एस. जी. देसाई हांणी सर्वेक्षण क्रमांक 128/10 च्या केशीचे मालमत्ते संदर्भांतल्या सर्वेक्षणाचे नोंदी जॅराल्दिन कॉश्त हांच्या नांवार आसा आनी ह्या कारणाक लागून हो निर्णय दिला. 1955 वर्सा सुरू जाल्ले भाट-भेंस वळेरीचे

(इन्व्हॅण्ट्री प्रोसिडींग्स) न्याय प्रक्रियेंत पाश्कुआल ज्योकीं मिलाग्रीस हांच्या मरणा उपरांत 3-5-1955 दिसा जाल्ले पावणेचे प्रक्रियेंत मालमत्तेचें वांटप जाल्लें आनी पयल्या दोन याचिकादारांचो सर्गेस्त बापूय आनी तिसऱ्या याचिकादाराच्या सांसुपायन ही मालमत्ता पावणेंतल्यान घेतिल्ली, हो मुद्दो विद्वान ज्येश्ठ वकिलान नदरेक हाडून दिलो. 31-8-1971 दिसा भूंय-संपादन न्याय प्रक्रियेंत दिल्ल्या आदेशांत, अशा संपादनाचो मोबदलो पयल्या दोन याचिकादारांच्या सर्गेस्त बापायक दिल्लो हाचेर ज्येश्ठ वकिलान लक्ष ओडून घेतलें. सर्वेक्षण क्रमांक 128/10 खाला सर्वेक्षण केल्ले वादग्रस्त जमनीचो प्रत्यक्ष ताबो याचिकादारा कडेन आशिल्लो आनी ताका लागून हक्काची नोंद जाहीर करचे आदीं, याचिकादारांनी सर्वेक्षणाचे नोंदींत आपलीं नांवां उल्लेख करपा खातीर अर्ज दाखल केल्लो, अशेंय ज्येश्ठ वकिलान फुडें सांगलें. पयल्या दोन याचिकादारांनी हेर गजालीं सयत एक अर्ज दाखल केल्लो, जातूंत सर्वेक्षणाचे नोंदींत जॅराल्दिन कॉश्त नांवांच्या अस्तित्वांत नाशिल्ले व्यक्तीचें नांव आसा, जिका अशे न्याय प्रक्रियेंत कब्जेदार म्हूण दाखयल्ली आसा, अशें ज्येश्ठ वकिलान नमूद केलें. याचिकदारांनी 5-10-1998 दिसा उत्तराधिकारी करारपत्र लेगीत सादर केलां आनी उपरांत भूंय महसूल संहितेच्या कलम 96 खाला सर्वेक्षणाचे नोंदींत आपलें नांव घालपा खातीर अर्ज दाखल केल्लो अशें विद्वान ज्येश्ठ वकिलान सांगलें. याचिकादारान दाखल केल्ल्या अर्जाचेर हरकत मागोवपी भौशीक कळोवणी (पब्लिक नोटीस) जारी केल्या उपरांत अशे न्याय प्रक्रियेंत प्रतिवादींनी आपलो आक्षेप नोंद केल्लो, जो 29-11-2000 च्या आदेशा वरवीं न्हयकारिल्लो अशेंय ज्येश्ठ वकिलान फुडें सांगलें. मागीर विद्वान ज्येश्ठ वकिलान म्हाका विद्वान त्रिबुनालान दिल्ल्या निर्णयाचो अभ्यास केलो आनी उप-जिल्लोधिकाऱ्याच्या आदेशा विरुद्ध दाखल केल्ली दुसरी अपील ग्राह्य धरली ना कारण, असल्या प्रकाराची अपील जरी आसल्यार ती जिल्लोधिकाऱ्या मुखार आसूंक जाय, अशें नदरेक हाडून दिलें. जॅराल्दिन कॉश्त ही अस्तित्वांत नाशिल्ली व्यक्ती आशिल्ल्यान, याचिकादाराक म्युटेशनाची न्याय प्रक्रिया दाखल करपाचो अधिकार आसा आनी म्हणून, विद्वान त्रिबुनालान ह्या आदेशांत हस्तक्षेप करप योग्य ना अशेंय विद्वान ज्येश्ठ वकिलान सांगलें. विद्वान त्रिबुलानाच्या निर्णया वरवीं अशें नदरेक हाडून दिलें, की विद्वान त्रिबुनालान चुकीचे पद्धतीन रॅकॉर्ड घेतल्यात अशें सांगलें आनी प्रतिवादींनी दाखल केल्ली अपील मान्य करून घेतल्या अशेंय विद्वान ज्येश्ठ वकिलान म्हाका सांगलें. विद्वान त्रिबुलान दिल्लो वादग्रस्त निर्णय बेकायदेशीर थारावन रद्द करचो अशें विद्वान ज्येश्ठ वकिलाचें म्हणणें आसा.

5. दुसरे वटेन, प्रतिवादीची बाजू मांडपी ज्येश्ठ वकील श्री. जे. ई. कोएलो पेरेरा हांणी ह्या आक्षेपीत न्यायनिवाड्याचें समर्थन केलें. याचिकादाराचो कथीत दावो हो भूंय महसूल संहिता लागू जावचे आदीं, 1955 वर्सा जाल्ल्या वांटपाचेर आदारीत आसा, अशें विद्वान वकिलान स्पश्ट केलें. अशे परिस्थितींत, भूंय महसूल संहितेच्या कलम 96 खाला केल्लो अर्ज ग्राह्य धरप ना अशें विद्वान वकिलान फुडें सांगलें. महसूल संहिता लागू जाल्या उपरांतूच, केल्लो वेव्हार वा हस्तांतरणा संदर्भांतूच भूंय महसूल संहिते खाला म्युटेशन नोंदी अधिकाऱ्यांक करूंक मेळटलें अशें विद्वान ज्येश्ठ वकिलान सांगलें. जॅराल्दिन कॉश्त हांचे कडल्यान याचिकादार कसलेच हक्क मागिना आनी देखून जॅराल्दिन कॉश्त हांचें नांव वगळावन, तांचीं नांवां म्युटेशन प्रक्रियेंत आसपावीत करपाचो प्रस्न पूर्णपणान चुकीचो आसा, अशें विद्वान ज्येश्ठ वकिलान फुडें सांगलें. प्रतिवादीच्या मता प्रमाणें, ही मालमत्ता गाल्दिनो कॉश्ताची आसा, जो प्रतिवादीचो काका आसा आनी जाचें नांव चुकीचे पद्धतीन जॅराल्दिन कॉश्त म्हूण दाखयल्लें आसा. केशींत आशिल्ली मालमत्ता सध्याक प्रतिवादी कडेन आसा आनी देखून प्रतिवादीन सादर केल्ल्या कागदपत्रांच्या आदारान, याचिकादारान हांगासर केल्ल्या म्युटेशनांत आक्षेप घेवपाचो प्रतिवादीक अधिकार आसा हाचेर वाद (तंटो) निर्माण करूंक शकना, अशें विद्वान ज्येश्ठ वकिलान फुडें सांगलें. भूंय महसूल संहितेच्या कलम 6 च्या प्रमाणें, उप-जिल्लोधिकारी हेवूय जिल्लोधिकारी म्हूण काम करतात आनी विद्वान त्रिबुनाला मुखार केल्ली अपील हिवूय सामकी सक्षम आसा, अशें ज्येश्ठ वकिलान सांगलें. खंयचेय परिस्थितींत, विद्वान त्रिबुनाला मुखार असो आक्षेप हाडूंक नाशिल्लो आनी त्रिबुनाल हो जिल्लोधिकारी परस वयल्या दर्ज्याचो आसा आनी म्हणून विद्वान त्रिबुनालान अपिलाची निपटावणी ही अंगभूत अधिकारक्षेत्रा शिवाय आसा अशें म्हणूंक जायना. ताका लागून वयली याचिका न्हयकारूंक जाय अशी मागणी विद्वान ज्येश्ठ वकिलान केली.

6. दोनूय पक्षांची बाजू मांडपी विद्वान ज्येश्ठ वकिलांच्या युक्तीवादाचो हांवें विचार केला. विद्वान ज्येश्ठ वकिलांचे मजतीन, हांवें संबंदीत आक्षेपीत न्यायनिवाडो आनी रॉर्डाचेर आशिल्ले सामुग्रीचो अभ्यास केला. क्रमांक 128/10 खाला सर्वेक्षण केल्ले वादग्रस्त मालमत्तेच्या संदर्भांतल्यो सर्वेक्षणाच्यो नोंदी पळयल्या उपरांत, कब्जेदार कॉलमांत जॅराल्दिन कॉश्त हांचें नांव आसा. सध्याचे केशींत, याचिकादाराचो असो युक्तीवाद ना की तांणी वयर उल्लेख केल्ल्या जॅराल्दिन कॉश्ता कडल्यान मालकीहक्क वा हितसंबंदान किदेंच घेतिल्लें ना. भूंय महसूल

संहितेच्या कलम 96 खाला अर्ज दाखल केल्ले आदीं, क्रमांक 128/10 खाला सर्वेक्षण केल्ली मालमत्ता आदींच प्रख्यापीत केल्ली, हाचेरूय कांयच तंटो ना. याचिकादार क्रमांक 1 आनी 2 हांच्या बापायन दाखल केल्ल्या अर्जाचो अभ्यास केल्या उपरांत, वादग्रस्त मालमत्तेचेर याचिकादारांचो कथीत दावो हो 1955 वर्सा जाल्ल्या वांटपाच्या आदाराचेर आसा. भूंय महसूल संहितेच्या कलम 96 प्रमाणें, उत्तराधिकार, निमाणो वांचून उरिल्लो, वारसो, फाळणी, खरेदी, घाणवट, दान, भाडेपटो वा हेर कसलेय जमनीचो धारक, कब्जेदार, घाणवट, जमीनदार, भाडेकरू वा खंयचेय जमनीचो सरकारी भाडेकरू म्हूण कसलेय हक्क प्राप्त करपी खंयचीय व्यक्ती अशा संपादनाचो लेखी अहवाल दिवंक जाय. हाचे वयल्यान अशें सुचयतात की, भूंय महसूल संहिता लागू जाल्या उपरांत अशें स्वरूप वा हस्तांतरण करतले. सध्याच्या खटल्यांत याचिकादारांच्या बापायन 1955 वर्सा जाल्ले वांटणीच्या आदाराचेर, भूंय महसूल संहितेच्या कलम 96 खाला अर्ज दाखल जायनासलो. सगळ्यांत पयलीं, सर्वेक्षण क्रमांक 128/10 खाला आशिल्ले मालमत्तेचो, याचिकादाराचो हो युक्तीवाद ग्राह्य धरूंक जायना, कारण 1955 वर्सा जाल्ले वांटणी वेळार खंयच्याय सर्वे नंबराचो प्रस्न उप्रासना. याचिकादाराची बाजू मांडपी ज्येश्ठ वकील एस. जी. देसाई हांणी सांगलें की, भूंय महसूल संहिता लागू जाल्या उपरांत, उत्तराधिकार करारपत्र तयार केल्लें, जाचे वयल्यान अशें दिसून आयलां की याचिकादार वादग्रस्त मालमत्ता ही आपल्या बापाय कडल्यान वारसान मेळयल्या. वादग्रस्त मालमत्ता ही मेल्ले व्यक्तीच्या नांवार ना, तेन्ना मेरेन उत्तराधिकार करारपत्र हें कसलोच निश्चीतपणान हक्क सिद्ध करूंक शकना, हाचो म्हाका हुस्को जाता. ताका लागून उत्तराधिकार करारपत्राच्या आदाराचेर, खंयचेंच म्युटेशन करपाचो प्रस्न, सध्याच्या प्रकरणांत वस्तुस्थिती आनी परिस्थितींत उद्भवचो ना.

7. म्युटेशनाचे न्याय प्रक्रियेंत म्युटेशन नोंदी करपी अधिकाऱ्यांक पक्षकारांचे मालकीहक्क थारावपाचो अधिकार ना, हें आदींच सर्वमान्य आसा. खंयच्याय संदर्भांत, म्युटेशन न्याय प्रक्रियेंत मालकीहक्क तयार करिना वा पराभव करिना आनी त्या संदर्भांत सदांच दिवाणी न्यायालयाच्या निर्णयाच्या अधीन आसता. ताका लागून भूंय महसूल संहितेंतले तरतुदींचे नदरेन, म्युटेशन न्याय प्रक्रियेंत चवकशीची व्याप्ती सामकीच मर्यादीत आसा. सध्याच्या प्रकरणांत, याचिकादाराचो म्युटेशनाचो दावो हो 1955 वर्सा जाल्ले वांटणीच्या आदाराचेर आसा, जेन्ना मालमत्तेचो सर्वेक्षण क्रमांक जाहीर करूंक नाशिल्लो. ताका लागून, याचिकादाराक संहितेच्या कलम 96 च्या प्रमाणें, म्युटेशना खातीर अर्ज दाखल करप शक्य नाशिल्लें. त्या

प्रकरणाच्या नदरेंतल्यान, विद्वान त्रिबुनालान हो आक्षेपीत न्यायनिवाडो दितना अंगभूत त्रुटी केल्ली ना अशें म्हाका दिसता.

8. याचिकादाराचे वतीन बाजू मांडपी विद्वान ज्येश्ठ वकील श्री. देसाई हांच्या युक्तीवादाच्या संदर्भांत, सध्याक मालमत्ता याचिकादाराच्या ताब्यांत आसा आनी भूंय महसूल संहिते खाला अधिकाऱ्यांक आक्षेपीत न्यायनिवाडो दिवप योग्य नाशिल्लो, आनी सकयल उल्लेख केल्ल्या अधिकाऱ्यांनी त्या मुद्द्यांचेर अभिनिर्णय घेवंक ना. खंयचेय परिस्थितींत, सकयल दिल्ली अधिकारिणी, म्युटेशनाच्या अर्जाचेर विचार करतना, अभिनिर्णय घेवंक शकना अशें म्हाका दिसता.

9. याचिकादाराचे वतीन बाजू मांडपी विद्वान ज्येश्ठ वकील श्री. देसाई हांच्या युक्तीवादाच्या संदर्भांत, विद्वान त्रिबुनाला मुखार मांडिल्ली अपील ही सक्षम नाशिल्ली आनी विद्वान त्रिबुनालान दिल्लो आक्षेपीत निकाल पळयल्यार, म्हाका अशें दिसता की विद्वान त्रिबुनाला मुखार त्या संदर्भांत कसलोच आक्षेप घेवंक नाशिल्लो. त्या शिवाय विद्वान त्रिबुनाला मुखार मांडिल्लो युक्तीवाद पळयल्यार, विद्वान त्रिबुनालाच्या अधिकारक्षेत्रा कडेन विसंगत अशें खंयचेंच म्हणणें विद्वान त्रिबुनाला मुखार मांडूंक ना. भूंय महसूल संहितेच्या कलम 188 तल्या तरतुदींचो अभ्यास केल्या उपरांत, ताच्या पोट-कलम (अ) खाला उप-विभागीय अधिकाऱ्याच्या अधिनस्थ खाला अधिकाऱ्यान दिल्ल्या आदेशाक आव्हान दिवपी अपील उप-विभागीय अधिकाऱ्या कडेन करतले. सध्याच्या प्रकरणांत, प्रतिवादीन जोड-मामलेदाराच्या आदेशा आड उप-जिल्लोधिकाऱ्या कडेन अपील दाखल करून अशा अपिलीय मंचाचो लाभ घेतला. भूंय महसूल संहितेच्या कलम 188 च्या उपकलम (2) च्या भूंय पोटकलम (अ) खाला, अपील दाखल केल्यार, ती अपली जिल्लोधिकाऱ्या कडेन वतली, आनी जरी कलम 188 च्या उपकलम (1) च्या पोट-कलम (ब) खाला, अपील दाखल केल्यार, ती अपील विद्वान त्रिबुनाला कडेन वतली. सध्याच्या प्रकरणांत, भूंय महसूल संहितेचें कलम 96 प्रमाणें, जिल्लोधिकाऱ्यांच्या अधिकाऱ्यांचो वापर करून उप-जिल्लोधिकाऱ्यांनी हो आदेश दिला, अशें गृहीत धरून प्रतिवादीन विद्वान त्रिबुनाला मुखार अशा दुसऱ्या अपिलाक प्राधान्य दिलां. अशे परिस्थितींत, विद्वान त्रिबुनाला मुखार अपिलाक अंगभूत अधिकारक्षेत्राचो उणाव आसा अशें म्हणप जावचें ना. विद्वान ज्येश्ठ वकील श्री. एस. देसाई, अशी अपील जिल्लोधिकाऱ्या मुखार दाखल करप योग्य आसल्यार लेगीत ही अपील विद्वान त्रिबुनाल आशिल्ल्या जिल्लोधिकाऱ्यांचे वयले

अधिकरिणी कडेन दाखल केल्ली आनी ताचेर याचिकादारांनी कसलोच आक्षेप घेवंक ना, ह्या कारणाक लागून भारतीय संविधानाच्या कलम 227 खाला विद्वान त्रिबुनालान दिल्ल्या निर्णयांत हस्तक्षेप करपाचें कसलेंच कारण ना अशें म्हाका दिसता. ताचे शिवाय, याचिकादारांनी हे बाबतींत प्रसंगानुरूप कसलेंच पूर्वग्रह दाखयल्लें ना.

10. रोहिदास विठ्ठल पाटील आनी हेर विरुद्ध उप-विभागीय अधिकारी (महसूल) नंदुरबार आनी हेर, *ह्या खटल्यांत 1993 त बॉम्बे सिव्हिल जोर्नाल 431 त दिल्ल्या न्याय निवाड्यांत ह्या न्यायालयाच्या विद्वान एकोडे न्यायाधिशान परिच्छेद 3 चेर अशें म्हणलां:*

> "3. याचिकादारांचे वतीन बाजू मांडपी विद्वान वकील श्री. नाईक हांणी सांगलें, की म्युटेशन नोंदी प्रमाणीत करपाचे तारखे पासून खुबूच काळ सरल्या उपरांत, प्रतिवादी क्रमांक 3 न केल्ले अपिलाचेर सुनावणी घेवंक महसूल अधिकाऱ्यांची चूक जाल्ली. पक्षकारांक कळोवणी दिल्या उपरांत, विधीवत प्रमाणीत केल्ले म्युटेशन नोंदींत, प्राथमीकतायेचे नदरेन लेगीत अपिलीय अधिकारिणीन विखंडन करूंक जायना असो युक्तीवाद वकिलांनी केला. आमच्या रीट अधिकारक्षेत्राचो वापर करून आमी ह्या युक्तीवादाची तपासणी करूंक इत्सूक नात. भूंय महसूल संहिते खाला गांवचे नोंदींत नोंदी करपा खातीर महसूल अधिकाऱ्यांनी दिल्ल्या आदेशांतल्यान मालमत्तेंतले पक्षकारांचे मालकीहक्क निश्चीत जायनात, हें आतां सामकें स्पश्ट जालां. हक्काचे नोंदींत, नोंदी वा मालकीहक्क निर्माण करिनात वा मालकीहक्क नश्ट करिनात. याचिकादारान ह्या आदींच दिवाणी न्यायालयांत खटलो दाखल केल्लो आसा आनी तातूंत फाळणीचे वैधतायेचो मुद्दो तपासतले. दिवाणी न्यायालयांत जो किदेंय निर्णय दितले, तो महसूल अधिकाऱ्यांचेर बंधनकारक आसतलो आनी दिवाणी न्यायालयाच्या निर्णया प्रमाणें महसूल अभिलेखांतल्यो नोंदी करप हें महसूल अधिकाऱ्यांक बंधनकारक आसतल्यो. हे परिस्थितींत, महसूल अधिकाऱ्यांनी दिल्ल्या आदेशांची वैधताय तपासपा खातीर रीट याचिकेचेर सुनावणी घेवपाची आवश्यकता ना".

11. ह्या न्यायालयाच्या विद्वान एकोडे न्यायाधिशांच्या निरिक्षणांची दखल घेतल्या उपरांत, म्युटेशनाची न्याय प्रक्रिया ही पक्षकारांचो पराभूत करूंक शकना वा मालकीहक्क वा अधिकार निर्माण करूंक शकना, तशेंच भारतीय संविधानाच्या अनुच्छेद 227 खाला ह्या

न्यायालयाच्या हस्तक्षेपाचें कसलेंच कारण ना. सध्याच्या प्रकरणांत, प्रतिवादीन सर्वेक्षण रॅकॉर्डांत आपलें नांव आसपावीत करपाचो प्रयत्न केल्लो ना आनी ताका लागून रॅकॉर्डांत (नोंदींत) जॅराल्दिन कॉश्त हांच्याच नांवाचेर उरतलें, हें लक्षांत घेवचें. अशे परिस्थितींत, दोनूय पक्षांक आप-आपल्या हक्कांचो, कायद्यां प्रमाणें निर्णय घेवपा खातीर योग्य ती न्याय प्रक्रिया सुरू करपाचें स्वातंत्र्य आसा. ह्या न्यायालयाच्या निर्णया प्रमाणें, अशा तंट्याचेर दिवाणी न्यायालयान निर्णय दिवंक जाय. खंयच्याय पक्षान उपायांचो असो फायदो घेतल्यार, गुणवत्तेच्या आदाराचेर दोनूय पक्षांचे सगळे युक्तीवाद मेकळे आसतले.

12. वयल्या गजालींचे अधीन रावन, याचिकादारा कडल्यान आक्षेपीत निर्णयांत हस्तक्षेप करपा सारकी कसलीच केस न्यायालया मुखार हाडली ना अशें म्हाका दिसता. ताका लागून याचिका न्हयकारल्या. नेम निपटायलो.

*याचिका भायर मारली.*

*अस्विकरण*

*ह्या न्यायनिर्णयाचो कोंकणी भाशेंतल्या ह्या अणकाराचो वापर हो पक्षकाराक ताचे/तिचे मायभाशेंत ताचो अर्थ समजून घेवपा पुरतोच मर्यादीत आसतलो आनी ताचो हेर खंयच्याच कारणा खातीर वापर करूंक येवचो ना, तशेंच इंग्लीश भाशेंतलो न्यायनिर्णय होच सगळ्या वेव्हारीक आनी कार्यालयीन वापरा खातीर विश्वासनीय आसतलो आनी तोच तातूंतल्या आदेशाच्या कार्यान्वियन आनी अंमलबजावणे खातीर वैध मानतले.*

**TRANSLATED BY DIRECTORATE OF OFFICIAL LANGUAGE, PANAJI, GOA**